# खेळां मंत्र्याकडल्यान राष्ट्रीय खेळां सर्तीच्या तयारीचो नियाळ

ता.10 एप्रिल 2018
20 चैत्र 1940

खेळांमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांणी गोंयात नोव्हेंबर म्हयन्यात जावपी राष्ट्रीय खेळां सर्त आयोजनाच्या तयारीचो नियाळ घेतलो.

श्री. आजगांवकर हांणी सांगले राष्ट्रीय खेळां सर्त ही गोंयचे खेळांमळ आनी खेळगड्यांखातीर एक उत्कृश्ट संद आसा. ही सर्त यशस्वी करपाखातीर एकवटीत यत्न करपाची गरज आसा. राज्यातल्या वेगवेगळ्या खेळांमैदानाचेर 32 खेळां प्रकाराच्यो सर्ती जातल्यो. श्री. आजगांवकर हांणी सध्या उपलब्ध आशिल्ल्या खेळां सुविधांची सुदारणा करपाच्या आनी नवीन खेळां साधनसुविधा निर्माण करपाच्या कामाचो संबंदीत अधिका-यांकडल्यान नियाळ घेतलो.

भारतीय ऑलिम्पीक संघटनेच्या तांत्रिक समितीचे अध्यक्ष श्री. मुकेश कुमार, गोंय खेळां प्राधिकरणाचे संचालक श्री. व्ही. एम. प्रभूदेसाय, गोंय ऑलिम्पीक संघटनेचे सचिव श्री. गुरूदत्त भक्ता आनी हेर अधिकारी ह्यावेळार हजर आशिल्ले.